# इलेक्ट्रॉनिक्स आनी इन्स्ट्रुमेंटेशन वेवसायिक अभ्यासक्रमा खातीर गोंय विद्यापिठांत प्रवेश प्रक्रिया सूरू

ता. 3 जून 2022

युनिव्हर्सिटी सायन्स इन्स्ट्रुमेंटेशन सेंटर (USIC), स्कूल ऑफ फिजिकल अँड अप्लाइड सायन्स (SPAS) हांगाच्या इलेक्ट्रॉनिक्स आनी इन्स्ट्रुमेंटेशन विशयातल्या बॅचलर ऑफ व्होकेशन (B.Voc.) अभ्यासक्रम शिक्षणीक वर्स 2022-23 खातीर गोंय विद्यापीठान प्रवेश प्रक्रिया सुरू केल्या.

प्रवेशा खातीरचे अर्ज फकत ऑनलाइन पद्धतीन स्वीकारतले. अभ्यासक्रम प्रवेशा खातीर उमेदवार मान्यताप्राप्त मंडळाची खंयच्याय शाखेतल्यान बारावी परीक्षा उत्तीर्ण आसपाक जाय. इत्सुक उमेदवारांनी चड म्हायतीखातीर गोंय विद्यापीठाच्या www.unigoa.ac.in वेबसायटीक भेट दिवची.

अभ्यासक्रमा खातीर अर्ज करपाची निमाणी तारीख 10 जून 2022 आसा. गोंय विद्यापीठातल्या युनिव्हर्सिटी सायन्स इन्स्ट्रुमेंटेशन सेंटरात 15 जून 2022 दिसा अभियोग्यता मूल्यांकन / मुलाखत जातली. 17 जून 2022 दिसा गुणवत्ता वळेरी जाहीर करतले आनी 20 जून 2022 सावन अभ्यासक्रमाक सुरूवात जातली.

प्रवेश पूरायपणान बारावीच्या वट्ट 40% गुणांच्या आनी योग्यताय मूल्यांकन/मुलाखतीच्या 60% गुणांच्या आधाराचेर तयार केल्ल्या गुणवत्ता वळेरीचेर आदारीत आसतलो.

चड म्हायती खातीर ईमेल आयडी: vetrekarnarayan@unigoa.ac.in , मोबाईल क्रमांक: 7030965974 / 8669609219 / 9423211264 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/397

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji